आकाशवाणी पणजेच्या

प्रादेशिक खबरा

Panaji Regional

18 may 2026 7:20 pm

मुखेल खबरो

- गोंय सरकार 10 कोटी चौखण मिटर सुवात no development zone म्हण आरक्षित करतले अशी म्हायती रान खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हाणी दिल्या.
- संस्कार भारती संस्थेवतीन दि. २२ ते दि. २४ मे मजगतीं नागेशी बांदोडा हांगा 'त्रिराज्य सांस्कृतिक संगम' कलाकार परिशद आनी प्रशिक्षण वर्ग आयोजीत केला.
- गोंय आपत्ती वेवसस्थापन यंत्रणेवरवी मान्सुनपुर्व तशेच आपत्ती वेवस्थापनाची कामा जाल्याची म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.
- शाळा सुरक्षेखातीर राष्ट्रीय आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाच्या मार्गदर्शक तत्वांची खर अंमलबजावणी करपाचो आदेश शिक्षण संचालनालयान दिला.

Rashmi Narse 70

गोंय सरकार 10 कोटी चौखण मिटर सुवात no development zone म्हण आरक्षित करतले. हातुन शेतकी जमीन, मीठागर, खाझन, खारफुटी, no development zone म्हण जाहीर करतले अशी म्हायती रान खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या, नगर नियोजन खात्याच्या अधिकाऱ्यावांगडा बसका घेतल्या उपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले.

Byte: vishwajit Rane

धर्मीक थळां आनी पुरातत्वीय थळांच्या वाठारात कसलीच TCP परवानगी दिवची ना. सर्वेक्षण केल्ले सुविती नोंदणी करून एनडीझेड वाठार म्हणून जाहीर करतले अशी म्हायती मंत्री राणे हांणी दील्या.

Rashmi Narse 40

मांद्रेचे आमदार जित आरोलकार हाणी पेडणे मतदारसंघाचे पयले मगो आमदार सर्गेस्त काशीनाथ उर्फ आबा शेटगांवकार हांच्या पुतळयाचें मोरजी जंक्शनाचे आयज अनावरण केलें. आबा शेटगांवकार हांणी राजकीय माध्यमातल्यान त्या वेळार केल्या वावराची याद पिळग्यान पिळगेक उगडासात उरची म्हण हो पुतळो उबारला अशे जीत अरोलकार हाणी म्हणला.

Prasad Pai 70

भारतीय पारंपारीक कला आनी सांस्कृतीक दायजाच्या राखण आनी संवर्धनाखातीर वावुरपी संस्कार भारती हे संस्थेवतीन दि. २२ ते दि. २४ मे मजगतीं नागेशी बांदोडा हांगा 'त्रिराज्य सांस्कृतिक संगम' ही तीन दिसांची कलाकार परिशद आनी प्रशिक्षण वर्ग आयोजीत केला. ह्या परिशदेंत गोंय, महाराष्ट्र आनी गुजरात राज्यांतले कलाकार, साहित्यिक, संशोधक आनी सांस्कृतीक मळावयले अभ्यासक आणि सुमार १५० प्रतिनिधी वांटो घेतले. भारतांतली नश्ट जावपी पारंपारीक कला आनी सांस्कृतीक परंपरांच्या राखणेसंबंदीं वेव्हारीक उपाय येवजणांचेर चर्चा करप हो ह्या कार्यक्रमाचो मुखेल हेतू आसा.

Rashmi Narse 140

य आपत्ती वेवसस्थापन यंत्रणेवरवी मान्सुनपुर्व कामांची तशेंच आपत्ती वेवस्थापन पांवड्यार सगळी तयारी जाल्याची म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. पर्वरी मंत्रालयांत कार्यालयीन बसके उपरांत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत ते उलयताले.

आपत्ती वेवस्थापनाच्या फांटभुयेंर राज्यात सुमार 600 आपदा मित्र आनी आपदा सखी काम सेवा दितले. तांका 750 रुपया दिसावडो दितले , तशेचं तांका विमो कवच दिवपाचो निर्णय सरकारान घेतला. हे शिवाय नौदळांचे 10 प्रशिक्षित पेवपी पावसाच्या काळात 4 म्हयन्याच्या काळाखातीर आप्तीवेळार मजत दिवपाक आफयल्यात. उत्तर गोंयांत तशेचं दक्षीण गोंयांत प्रत्येकी 2 रुग्णवाहिका

घेतल्यात, जाल्यार 172 मनशाकं Goa Institute of Public Administration and Rural Development -GIPARD जीपार्डावरवी आपत्ती वेवायस्थापनाचे प्रशिक्षण दिवन पावसाच्या काळात तैनात करतले. फायर ब्रिगेडीक मिनी वोटर टेण्डर दिला. 12 तालुक्यांनी आप्नती वेवस्थापन यंत्रणा कक्ष स्थापन केल्यात. हे शिवाय मामलेदारांक खासा मोबायल फोन दिवन आपपत्ती वेवस्थापन संपर्क करपाची यंत्रणा म्हण तयार दवरतले.सागर कवच वरवी कोस्टर आपत्ती वेस्थापन यं6मा चालीक लायतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या

Rashmi Narse /**गणेश** 226

चिऱ्यांच्या खणीचेर तशेंच मायनिंग पीटांत साचिल्लया उदकात पावसाच्या हंगामात पेवपाक वच्चे न्ही अशे आवाहन मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हंणी गोंयकारांक केला. राज्यातल्या पावसाच्या काळात धोकादायक उदका थळांचेर सराकरान हे वाठार धोकादायक अशे दाखोवपी तक्ते लावपाक सुरुवात केल्यांची म्हायती तांणी दिल्या. पावसाच्या हंगामात भारतीय वेधशाळेन दिल्लया हवामानाच्या अपडेटाविंशी नागरीकांक कळीत केला. रेड अलर्ट तशेच यलो अलर्ट विशी पावसाच्या काळात नागरीकांनी सादुर रावचे अशेंय तांणी म्हणला.

गोंय भलायीक खात्यावतीन साथीची दुयेसा पाताळची न्ही म्हण फवारणी, तशेचं हेर आवश्यक ती पावला उबारल्यात. हे शिवाय भायल्यान गोंयांक बांधकाम तशेचं हेर कामांखातीर येवपी मनशांची मलेरिया चाचंणी ताका काम दिवपी,तशेचं ते जंय भाड्याक रावतात तांणी करुन घेवप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. वीज खात्याक हुमकळपी वीजेच्यो सरयो तशेचं कळमल्ले आनी धोकादायक परस्थिती आशिलले लायटीचे खांबे काडपाक सांगल्यात अशी म्हायती तांणी दिल्या.

उदकास्त्रोत खात्यावतीन हुवार येवपी न्हयंतलो गाळ उसपाचे काम सुरु जाला. म्हापशेच्य तार न्हयी तलो गाळ काडपाचे काम लागी लागी पुराय जाला,जाल्यार पारोडा हे काम बेगीनुच सुरु जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. धरणांची पातळी तपासपाचे काम सुरु जाला. नुस्तेमारी खातरे, रान खाते, कोंकण रेल्वे, उजो पालोवपी दळ, पुलिस, येरादारी पुलिसाची पावसाच्या काळात आपत्ती वेवस्थापन कशा पध्दतीन हातळपाचो ताचो आदेश महसुल सचिवान हालीच बसका घेवन दिला.

हे शिवाय दरड कोसळपाच्या वाठारांचो रान खात्यान नियाळ घेवन अशए वाठार असुरक्षित म्हण नोंदणी करुन घेतला. रस्त्याकुशीक लेगीत अशए लॅण्डस्लायड जावपीची शक्यताय आसा अशा वाठाराचो भौशिक बांधकाम खात्यान नियाळ घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

Subhash jan 190

शाळा सुरक्षेखातीर राष्ट्रीय आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाच्या मार्गदर्शक तत्वांची खर अंमलबजावणी करपाचो आदेश शिक्षण संचालनालयान दिला. सुरक्षेच्या कामांक कसलोच कळाव करिनास्ताना प्राधान्य दिवचें अशें शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी म्हळां. राष्ट्रीय आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाच्या सुचोवण्यां प्रमाण शाळांनी 'आपत्ती वेवस्थापन आनी तयारी' हांचो नियाळ घेवपा खातीर हें पावल उबारलां.

राज्यांतल्या सगळ्या सरकारी, सहाय्यक, असहाय्य, मुळाव्या, माध्यमीक, उच्च माध्यमीक आनी खाशेल्या शाळांनी हे सुरक्षेचे उपाय चालीक लावप सक्तीचें आसून सगळ्या शाळांनी गरजेचे सुरक्षेचे उपाय पुराय करून 20 दिसां भितर शिक्षण संचालनालयाक सविस्तर अहवाल सादर करचो असो निर्देश दिला. शिक्षणीक संस्थांची आपत्ती वेवस्थापन क्षमता वाडोवप आनी शाळा खंयचेय आणीबाणीची परिस्थिती हाताळपाक पुरायपणान सक्षम करप हो हे मोहिमेचो मुखेल हेत आसा.

Announcement – **100**

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम- ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर, पीराय 21 ते 50 वर्सां कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान - इंग्लीश- कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आनी प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अर्ज करपाक निमणी तारीख 1 जून अशी आसा.

Pib 42

गोंय राज्यांत घरांच्या जनगणनेचो पयलो पांवडो यशस्वीरित्या पुराय जाला. 16 एप्रिल ते 15 मे 2026 मेरेन मोबायल ॲप डिजिटल प्लॅटफॉर्मावरवी घरांच्या जनगणनेचो पयलो पांवडो चलतालो.पयल्या पांवड्यार घरांच्या जनगणने खातीर तीन हजार प्रशिक्षीत कर्मचाऱ्यांची नेमणूक केल्ली. जनगणनेच्या दुसऱ्या पांवड्यार लोकसंख्येची जनगणना जावपाची आसा.

**खेळ**

इंडिअन फुटबॉल लीग विजेतेपदाखातीर आवश्यक अशील्लो एक गुण डायमंड हार्बर एफ सीन धेंपो स्पोर्ट्स क्लबाक १ आड १ बरोबरीन रोखून जैत जोडले.

**हवामान**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ल्या निरीक्षणाप्रमाण राजधानीत कमाल तापमान 35 पूज्य 2 अंश सेल्सियस जाल्यार किमान तापमान 25 अंश सेल्सियस अशे आसा.

**परतून एक फावट काय मुखेल खबरो.**

- गोंय सरकार 10 कोटी चौखण मिटर सुवात no development zone म्हण आरक्षित करतले अशी म्हायती रान खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हाणी दिल्या.
- संस्कार भारती संस्थेवतीन दि. २२ ते दि. २४ मे मजगतीं नागेशी बांदोडा हांगा 'त्रिराज्य सांस्कृतिक संगम' कलाकार परिशद आनी प्रशिक्षण वर्ग आयोजीत केला.
- गोंय आपत्ती वेवसस्थापन यंत्रणेवरवी मान्सुनपुर्व तशेच आपत्ती वेवस्थापनाची कामा जाल्याची म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.
- शाळा सुरक्षेखातीर राष्ट्रीय आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाच्या मार्गदर्शक तत्वांची खर अंमलबजावणी करपाचो आदेश शिक्षण संचालनालयान दिला.